# भोंवतो चित्ररथ- जागृताय करपाचो पारंपारिक मार्ग

म्हायतीचो प्रसार आनी जागृताय करपा खातीर साबार मार्ग आनी माध्यमां आसात, जांव मागीर ते छापील, इलेक्ट्रॉनिक आनी समाज माध्यम आसू. ह्या खेरीत हेर माध्यामांय आसात, जशें ऑडिओ-व्हिज्युअल, फिल्म, पथनाट्य आनी हेर पारंपारिक माध्यमां. खंयचेय प्रशासन जांव मागीर ते राज्य वा केंद्र पांवड्यावयले आसू, ते आपणे केल्ली प्रगती, येवजण्यों, उपक्रम आनी विकासाची म्हायती आनी जागृताय लोकांमेरेन पावोवपाखातीर अशां माध्यमांचो उपेग करता.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत जांणी मुख्यमंत्री पदाचो अडेच वर्सांचो कार्यकाळ पुर्ण केला ते समाजातल्या लोकांचे जीवनमान सुदारपाच्या आनी लोकांच्या कल्याणाची खात्री करून घेवपाच्या उद्देशान समाजातल्या सगळ्यां घटकांमेरेन पावपाखातीर वेगवेगळें तरेन प्रयत्न करतात.

राज्य सरकारान आपल्या तीन उपक्रमांचेर भर दिल्लो आसा, जातूंत स्वयंपुर्ण गोंय, गोंय साठाव्या वर्सांत आनी तुमच्यो येवजण्यों जाणून घेयांत, हांचो आस्पाव आसा. हे तीन उपक्रमं व्यापक करपाच्या उद्देशान सरकारान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या नाविन्य संकल्पनेतल्यान सरकारी येवजणांची जागृताय करपा खातीर खास भोंवतो चित्ररथ तयार केला. 13 सप्टेंबर 2021 दिसा ह्या जागृताय चित्ररथाचो शुभारंभ केल्लो आसून लोकांमदी सरकारी येवजणांविशीं जागृताय करपा खातीर उपेगी थारला. हो भोवतो चित्ररथ तीन संकल्पनांचेर तयार केल्लो आसून स्वयंपुर्ण गोंय, गोंय साठाव्या वर्सांत आनी तुमच्यो येवजण्यों जाणून घेयांत ह्या उपक्रमांचो आस्पाव आशिल्ल्या जागृताय चित्ररथाक गोंयच्या दोनय जिल्ह्यातल्या लोकांकडल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान विकसीत केल्लो आनी गोंयभर फिरून सरकारी येवजणांविशीं जागृताय करपी चित्ररथ गोंयांतली एक नामनेची एजन्सी मैं. सनलायट मिडिया हांणी तयार केला. हो चित्ररथ राज्यांतल्यो सगळ्यों

ग्रामपंचायतीं, नगपालिकां, भौशीक गणेश उत्सव मंडळां, बसस्टॅण्ड, लोकांच्या गर्दीच्या जाग्यांचेर हेर जाग्यांचेर भोवून जागृताय करतले. आता मेरेन हो चित्ररथ उत्तर गोंयांतल्या चडशां गांवांनी भोवला आनी दक्षीण गोंयांतल्या कांय शारी वाठारांसयत गांवांनीय पावला.

गोंयांत सामान्य पणान आमी वेगवेगळ्यां पौराणिक कथांचेर आदारीत तयार केल्ले चित्ररथ आमचो फामाद शिगमोत्सव, कार्नव्हाल तशेंच नवी दिल्लीत 26 जानेवारीक प्रजासत्ताक दीस संचलनात पळयतात. पुण सरकारी येवजणांची म्हायती लोकांमेरेन पावोवपाखातीर तयार केल्लो हो खास भोवतो चित्ररथ वेगवेगळ्यां जाग्यांचेर थांबून लोकांचे लक्ष वेधून घेवन लोकांमदी सरकारी येवजणांविशीं जागृताय करता.

गणेश चतुर्थीच्या उत्सवी संकल्पनेचेर तयार केल्ल्या चित्ररथावरवीं एलईडी स्क्रिन ऑडिओ-व्हिज्युअल संदेशातल्यान वयल्या तीन सरकारी उपक्रमांचेर जागृताय करपात येता. सरकाराच्या वेगवेगळ्यां कल्याणकारी येवजणां सयत सरकार तुमच्या दारांत ह्या कार्यक्रमाचीय चित्ररथाच्या माध्यमांतल्यान जागृताय करपत येता. तशेंच गणपती देखाव्यासयत लोकसंगीत आनी पारंपारिक कलेचे दर्शन घडोवपात येता. सरकारी येवजणांचो फायदो घेवपाक लोकांक सोपे जावचे म्हुण सरकारी येवजणांची म्हायती आशिल्ली पुस्तीकाय लोकांक वाटपात येता. लोकांच्या जीणेचो दर्जो सुदारपाच्या दृश्टीन समाजातलो खंयचोच घटक सरकारी येवजणांच्या लावापासून पयस उरचो न्हय ह्या खातीर सरकार वावूरता.

आमचो देश स्वतंत्रतायेचो अमृत महोत्सव जाल्यार गोंय राज्य आपल्या मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयता. केंद्र सरकारान सुरू केल्ल्या आत्मनिर्भर भारत मोहिमेच्या धर्तेर गोंय सरकारान राज्यांत स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम सुरू केल्या. सरकारच्यो कल्याणकारी येवजणों लोकांमेरेन पावोवन गरजू लोकांक तांचो लाव मेळोवन दिवन ही मोहिम यशस्वी करपा खातीर सरकारी यंत्रणां कामाक लागल्यात. गरजू लोकांनी येवजणांचो लाव घेवन आपल्या जीणेचो दर्जो सुदारपा वांगडाच स्वयंपुर्ण गोंयाखातीर फुडाकार घेवपाक जाय.

सरकारान राज्य आनी राज्यांतल्या लोकांच्या हिताखातीर  मारिल्ली पावलां आनी उपायांची लोकांमदी जागृताय करपा खातीर आनी समाजातल्या लोकांच्या भल्याखातीर आशिल्ल्या येवजणांची कार्यक्षमपणान अंमलबजावणी करपा कातीर सरकाराचे अशें उपक्रम नक्कीच उपेगी थारतलें.

**प्रकाश नाईक**

**म्हायती अधिकारी**

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji